गोंय लोक सेवा आयोग

ईडीसी हावस, ब्लॉक 'सी', 1लो मजलो, दादा वैद्य रोड, पणजी, गोंय – 403001.

संकेतथळः http://gpsc.goa.gov.in

# जायरात क्रमांक 03 वर्स 2024

सकयल दिल्ल्या पदां खातीर ऑनलायन अर्ज मागयतात.

**प्रतिनियुक्तीचेर बदली केल्लीं पदां सोडून हेर सगळया पदां खातीर अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 22-03-2024 आसा. फकत प्रतिनियुक्तीचेर बदली रुपान पदांचे अर्ज भरपाची निमाणी तारीख 22-04-2024 आसा.**

ऑनलायन अर्ज भरचे पयलीं, उमेदवारांनी आयोगाच्या संकेतथळार उपलब्ध आशिल्ल्यो "सुचोवण्यो" जतनायेन वाच्चयो.

2. वेवसायीक म्हाविद्यालयां आनी भलायकी सेवा संचालनालयांत सल्लागार ह्या गट 'ए' पदां खातीर, कोंकणीचें गिन्यान आशिल्ले योग्य उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, हेर तरेन योग्य आशिल्ल्या उमेदवारांची शिफारस गोंय लोक सेवा आयोग करूंक शकता आनी ही अट सदळ करप गरजेचें वा ताकतिकेचें अशें सरकाराचें मत आसल्यार, गोंय लोक सेवा आयोगाचे शिफारसीचेर सरकार ही अट सदळ करूंक शकता.

3. विहीत शिक्षणीक पात्रताय ही फकत किमान पात्रताय आसा आनी फकत ही पात्रताय आसली म्हूण उमेदवार मुलाखतीक आपोवपाक पात्र आसतलेच अशें ना. अर्जांची संख्या चड आसल्यार, "**सुचोवण्यांनी**" नमूद केल्ल्या प्रमाणें आयोग मुलाखतीक आपोवंक उमेदवारांची लघू वळेरी तयार करतले.

## I. गृह खातें (सामान्य)

**गोंय पुलीस खात्यांत प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून पदां**

**विज्ञानीक अधिकारी (डीएनए), प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं ...1 पद (अनारक्षीत)**

**वेतन श्रेणी:** सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो-10 प्रमाणें

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** राज्य/केंद्रीय फॉरेन्सीक सायन्स प्रयोगशाळेंत अनुरूप पदाचेर आशिल्ले अधिकारी.

<u>II. दक्षता संचालनालय</u>

**सहाय्यक तंत्रिकी परिक्षक, प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं ..... 1 पद (अनारक्षीत) (3रे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** टप्पो-7

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** केंद्र / राज्य सरकार आनी केंद्र शासीत प्रदेश क्षेत्रांत अनुरूप श्रेणींतलीं पदां धारण केल्ले अधिकारी:

(a) (i) सहाय्यक अभियंतो वा तत्सम; वा

(ii) श्रेणींत 3 वर्सांची सेवा आशिल्लो सहाय्यक अभियंतो वा तत्सम; आनी

(b) मान्यताय प्राप्त विद्यापिठांतल्यान नागरी अभियांत्रिकीची पदवी वा तत्सम आसूंक जाय आनी संशोधन संस्थेंत काम करपाचो अणभव आसल्यार बरें.

<u>III. भौशीक भलायकी खातें</u>

<u>भलायकी सेवा संचालनालया खाला प्रतिनियुक्तीचेर बदली करून पदां</u>

**वरिश्ठ शल्यचिकित्सक, प्रतिनियुक्तीचेर बदली वरवीं ... 2 पदां (अनारक्षीत) (2रे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600-39,100+6,600/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें) **पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** केंद्रीय/ राज्य सरकाराच्या प्रशासनांतले अधिकारी

(a)(i) नियमीत आदाराचेर अनुरूप पद सांबाळपी; वा

(ii) रू. 8000-275-13500 (पूर्व-सुदारीत) श्रेणींत 5 वर्सांची नियमीत सेवा आनी

(b) थेट भरती करप्यान विहीत केल्ली शिक्षणीक पात्रताय आनी अणभव आसूंक जाय, ती म्हणल्यार-

(i) भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 चे (1956चो 102) पयले वा दुसरे वळेरेंत वा तिसरे वळेरेच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसरे वळेरेच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय धारकांनी भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) हातूंत दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी, ती नासल्यार पदव्युत्तर पदविका (iii) पदव्युत्तर पदवी घेतल्या उपरांत विशेशताये संबंदीत जापसालदार पदाचेर 3 वर्सांचो अणभव वा पदव्युत्तर पदविका घेतल्या उपरांत 5 वर्सांचो अणभव.

<u>गोंय दांत म्हाविद्यालय आनी हॉस्पिटलांत थेट भरती करून भरपाचीं पदां</u>

**ओरल आनी मॅक्सिलोफेशियल शस्त्रक्रिया विशयांत व्याख्यातो ...1 पद (अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत) (7वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600- 39,100+ 5,400/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो-10 प्रमाणें)

**पिराय-** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक-** (i) दांत चिकित्सा अधिनेम, 1948 चे (1948 चो 16) वळेरेंतल्या भाग I वा भाग II हातूंत आसपावीत केल्ली पात्रताय. (ii) डॅण्टिस्ट्रींत पदव्युत्तर पदवीची पात्रताय म्हणल्यार मान्यताय प्राप्त संस्था वा तत्सम हातूंतल्यान संबंदीत विशेशतायेंत/विशयांत दांत शल्यचिकित्सेंत मास्टर. (iii) दांत मंडळा कडेन नोंदणीकृत आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छीक:** (i) पदव्युत्तर पदवी उपरांत मान्यताय प्राप्त संस्थेंत एक वर्स शिकोवपाचो अणभव. (ii) मान्यताय प्राप्त दांत म्हाविद्यालय / वैजकी म्हाविद्यालय जंय दांत विशयक विभाग / दांत विशयक

संस्था आसा, हातूंत निबंधक / ट्युटर / वरिश्ठ निवासी / प्रात्याक्षीककर्ता म्हूण डॅण्टिस्ट्रीचे संबंदीत विशेशतायेंत तीन वर्सांचो अणभव. (iii) मराठीचें गिन्यान.

## IV. उच्च शिक्षण संचालनालय

सरकारी म्हाविद्यालय

**सहाय्यक प्राध्यापक**

**(i) इंग्लीश … 1 पद (अनुसुचीत जमाती खातीर आररक्षीत) (6वे फावटी)**

**(ii) वाणिज्य … 8 पदां (4 पदां हेर मागास वर्गियां खातीर, 4 पदां अनुसुचीत जमाती खातीर आरक्षीत) (5वे फावटी)**

**वेतन श्रेणी:** रू. 15,600-39,100+6,000/- (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 10 प्रमाणें)

**पिराय** - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक :** (I) भारतीय विद्यापिठांतल्यान संबंदीत विशयांत पदव्युत्तर पदवी पांवड्यार उण्यांत उणे 55% गूण वा तत्सम श्रेणी घेवन बरी शिक्षणीक नोंद, वा विदेशी विद्यापिठांतल्यान तत्सम पदवी. (ii) सहाय्यक प्राध्यापक म्हूण नेमणुके खातीर राष्ट्रीय पात्रताय परिक्षा (एनईटी) / राज्य स्तरीय पात्रताय परिक्षा (एसईटी) ह्या परिक्षांची आवश्यकता सक्तीची आसतली: पूण ज्या उमेदवारांक पीएच.डी प्राप्त जाल्या वा मेळ्ळया, जी “विद्यापीठ अनुदान आयोग (पीएच.डी पदवी खातीर किमान मानक आनी पद्धत), नियमन 2009 चें पालन करून दिल्या, तांकां म्हाविद्यालयांत प्राध्यापक वा त्या पांवड्या वयल्या पदा खातीर भरती वा नेमणूक करतना एनईटी/एसईटी चे किमान पात्रताये पसून सूट मेळटली.” (iii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छीक:** (i) संबंदीत विशयांत पीएच.डी वा ऍम. फील. (ii) मराठीचें गिन्यान.

*अनुसुचीत जात/अनुसुचीत जमात/हेर मागास वर्गीय/दिव्यांग व्यक्ती ह्या वर्गां खातीर पदवीधर आनी मास्टर स्तराचेर पात्रतायेच्या निकशांत आनी शिक्षणीक पदांचेर थेट भरती करतना बऱ्या शिक्षणीक नोंदीचें मुल्यांकन करूंक 5 टक्के सूट दिवं येता.

## V. तंत्रीक शिक्षण संचालनालय

सरकारी तंत्रनिकेतन

नागरी अभियांत्रिकींत व्याख्यातो ...1 पद (हेर मागास वर्गियां खातीर आरक्षीत) (2रे फावटी)

वेतन श्रेणी: सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 9ए प्रमाणें पिराय - 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-

आवश्यक: (i) अभियांत्रिकी/तंत्रगिन्यानाचे योग्य शाखेंत पयली श्रेणी मास्टर पदवी वा अभियांत्रिकी/तंत्रगिन्यानाचे योग्य शाखेंत पयली श्रेणी बॅचलर पदवी.

टीप: वयल्या उद्देशा खातीर, “योग्य शाखा” म्हणल्यार पद भरपा आशिल्ली शाखा वा हेर खंयचीय शाखा जातूंत समावेश केल्ल्या विशयाचे आवडीचो प्रात्यक्षीक पुरावो आसा.

(ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

ऐच्छीक: (i) मराठीचें गिन्यान.

## VI. श्रम खातें

ईएसआय येवजणेंत वरिश्ठ अस्तिरोग शल्यचिकित्सक (Senior Orthopaedic Surgeon in ESI Scheme) ....1 पद (अनारक्षीत) (3 रे फावटी)

वेतन श्रेणी: रू. 15,600 – 39,100 + 6,600 (पूर्व-सुदारीत) (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो 11 प्रमाणें)

पिराय – 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना.

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 चे पयले वा दुसरे वळेरेंत वा तिसरे वळेरेच्या भाग II (सनद पात्रताय सोडून) हातूंत आसपावीत केल्ल्या प्रमाणें मान्यताय प्राप्त वैजकी पात्रताय. तिसरे वळेरेच्या भाग II प्रमाणें शिक्षणीक पात्रताय धारकांनी भारतीय वैजकी मंडळ अधिनेम, 1956 च्या कलम 13 पोट-कलम (3) हातूंत दिल्ल्यो अटी पुराय करूंक जाय. (ii) संबंदीत विशेशतायेंत पदव्युत्तर पदवी. (iii) पदव्युत्तर पदवी घेतल्या उपरांत तांचे विशेशतायेंत जापसालदार पदाचेर तीन वर्सां काम केल्लें आसूंक जाय. (iv) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छीक:** मराठीचें गिन्यान.

## VII. महिला आनी बाल विकास संचालनालय

**परिविक्षा अधिकारी (अस्तुरी) (Probation Officer) …. 2 पदां (1 पद दिव्यांग व्यक्ती खातीर आरक्षीत) (अंधत्व आनी कमी दिसप) आनी 1 पद सीएफएफ खातीर आरक्षीत) (3रे फावटी)**

**टीप 1: जरी दिव्यांग व्यक्तीच्या वर्गांत उमेदवार उपलब्ध नासल्यार, ताका दिव्यांगत्वाच्या चार वर्गांनी अदला-बदल करून भरूं येता आनी सीएफएफ वर्गांत अनारक्षीत वर्गांतली समान संख्या रिकामी दवरूंक जाय.**

**वेतन श्रेणी:** रू. 9,300-34,800 + GP 4600/- (सुदारीत वेतन मॅट्रिक्स टप्पो-7 प्रमाणें)

**पिराय -** 45 वर्सां परस चड आसूंक जायना

**शिक्षणीक आनी हेर पात्रताय:-**

**आवश्यक:** (i) मान्यताय प्राप्त विद्यापीठ वा तत्सम संस्थेंतल्यान पोशण वा भुरगें विकास हो विशय घेवन समाज सेवा / समाज कल्याण / समाज कार्य / समाजशास्त्र / मानसशास्त्र / गृह विज्ञान हातूंत मास्टर पदवी. (ii) कोंकणीचें गिन्यान आसूंक जाय.

**ऐच्छीक:** मराठीचें गिन्यान.